नमस्कार आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या

Date :30/07/2025

प्रादेशिक खबरो

7.20 pm

मुखेल खबरो

- ज्या नागरीकांनी इनेबलींग हावस नंबर म्हळ्यार(इएचएन) घर क्रमांक दिल्यात तांणी आपलीं घरां नियमीत करपा खातीर अर्ज करचो अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला.
- राज्यातल्या खेळा-मळाक उर्बा दिवपाक सरकारान जायती पावला उबारल्यात अशे मुखेलमंत्र्यानी म्हळा.
- जुवेच्या पुलाच्या दुरुस्तीचे काम बेगोबेग सुरु करता तशेंच फेब्रुवारी मेरेन नव्या पुलाच्या कामाक सुरुवात करता अशे आस्वासन मुखेलमंत्र्यानी दिला.
- वास्कोच्या श्री दामोदराच्या नामनेच्या भजन सप्तकाक आयज सावन सुरुवात जाल्या.
- कोंकण रेल्वे पुलिसांनी रेल्वेंतल्यान गोंयांत येवपी स्थलांतरीत कामगारांची चवकशी मोहीम सुरू केल्या.

आता पुराय खबरो

---------------------------------------------

रश्मी

राज्यात सध्याक enaballing house no म्हणल्यारुच EHN घर नंबर आश्ल्ली ३३ हजार ८१३ घरा नोंद आसात जाल्यार सुमार ८ ते धा हजार जणांनी अशे घरनंबर आजुनुय घेंवक ना, जाचें कडेन अशे घर नंबर ना तांका ह्यानफुडे कसल्याच सराकरी येवजणेचो लाव दिवचो ना अशी म्हायती पंचायत मंत्री माविन गुदिन्हो हांणी दिली.कायकराणा लागूनही घरा कायदेशीर जाय नात ताका लागुन ह्या घरांक सरकारान २५ ओक्टोबर २०२१ वर्सा

परीपत्रक काड्न EHN नंबर दिल्यात. मेयेचे आमदार प्रेमेंद्र शेट हाणी अशा घरांक रावपी नागरीकांक उदक लायट तशेंच सराकरी येवजणेचो लाव घेंवक मेळटा कांय किते असो प्रस्न केल्लो. ह्या घरांनी रावपी ९० टक्के लोक हे गोंयकार आसात अशी म्हायती सभाघराक ताणी दिली. ह्यावेळार फार्तोडाचे आमदार विजय सरेदसाय हांणी अशा घरांक वेंचणुकेपुरती कायदेशीर घरा करतात अशे सागुंन मताचे राजकारण करचे न्ही अशे म्हणला.मजगती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी ह्यावेळार ज्या नागरीकांनी स्वतची जमिन घेंवंन घर बांदला तांची घरा रोका कायदयावरवी कायेदशीर करपाक मेळटा. हो कायदो आता सरकार परत एकदा अशा घरात रावपी मनसांखातीर चालीक लायतले अशी म्हायती तांणी दिल्या .

--------------------------------------------

**रश्मी**

गोंयच्या वेगेवगळ्या खेळां संघटनांक सराकारन वेळात अर्थिक मजत दिंवक नाशिल्लयान ह्या संघटनामदी निरशेंवणी आयल्याचो परीणाम गोंयच्या खेळगडयांचेर जावपाक लागला. मागीर अशा खेळगड्यांक उर्बा दिवची सरकारी जापसालदारकी न्हंय काय असो प्रस्न आमदार विजय सरदेसाय हांणी सरकाराक केलो. इतले मजगती मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांणी सरकारान संघटनांक दिल्या पैशाचो कसो उपेग केला ताचे विनियोग प्रमाणपत्र दिल्या उपरांत ह्या संघटनांक निधीचो फुडलो हप्तो दिता अशे म्हणला. राज्यातल्या खेळा-मळाक उर्बा दिवपाक सरकारान जायती पावला उबारल्यात अशे तांणी म्हळा, राज्यातली बरी मैदाना प्रत्येक खेळाच्या खासा प्रशिक्षणाखातीर उपेगात हाडपाच्या नदरेतल्यान लेगीत सरकार काम करता अशी म्हायती मुखेलमंत्र्यानी सभाघराक दिली.

--------------------------------------------

रश्मी

जुवेचो पुल सामको बाबत स्थितीन आसा, हो पुला जाता तितल्या बेगीन सराकारन बांदुन दिवचो अशी मागणी शुन्य वराक आमदार विरेश बोरकार हांणी केल्या. ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यानी पुलाच्या दुरुस्तीचे काम बेगोबेग सुरु करता तशेंच फेब्रुवारी मेरेन नव्या पुलाच्या कामाक सुरुवात करता अशे आस्वासन दिला.

मजगती विरोधी पक्ष फुडारी युरी आलेमाव हांणी गोंयच्या वेगेवगळ्या पुलिस स्टेशनांनी ९० टक्के पुलिसांचो उणाव आसा अशे सभाघराच्या नदरेक हाडुन दितना सांगले (बयतेसuri police 15 सेक) . मजगती मुखेलमंत्र्यान १५ ऑगस्टाउपरांत पुलिस भरती करता अशे आस्वासन दिताना सांगले (बयतेसcm reply 11 सेक )

---------------------------------------------

गणेश

सरकारी जमनींतलीं २८ फेब्रुवारी २०१४ आदलीं घरां तशेंच बांदकामां अधीकृत करपाची तरतूद आशिल्लें गोंय भू- महसूल दुरूस्ती विधेयक सभाघरांत सादर जालें. महसूलमंत्री बाबूश मोन्सेरात हांणी हें विधेयक सभाघरांत सादर केलें. ह्या कायद्यांत नव्या ३८ अ ह्या कलमाचो आसपाव केला. २८ फेब्रुवारी २०१४ पयलीं सरकारी जमनींत बांदिल्लीं अनधिकृत घरां तशेंच बांदकाम अधिकृत करपाचे अधिकार उपजिल्हाधिकाऱ्यांक दिल्यात. चडांत चड ४०० चौमी मेरेनचीं घरां अधिकृत करतले.

---------------------------------------------

रश्मी

उतर आनी दक्षीण गोंयांत जिल्हो पंचायत वांगडयाखातीर जिल्हो पंचायत भवन सरकारान बांदुन दिवचे अशी मागणी नावेलीचे आमदार उल्हास तुयेकार हांणी केला. तशेचं दक्षीण गोंयच्या जिल्हो पंचायत कार्यालयात कर्मचाऱ्यांचो उणाव आसा अशे तांणी सभाघराच्या नदरेक हाडुन दिले. ह्या प्रस्नाक जाप दितना पंचायत मंत्री माविन गुदिन्हो हांणी जिल्हो पंचायत वांगड्यांखतीर भवन बांदपाच्या नदरेतल्यान जमिन सोदप सध्या सुरु आसा, अशी म्हायती दिली. कार्यालयात आशिल्लो कर्मचाऱ्यांच्या उणावाचो प्रस्न सुटावो करपावांगडाच ह्या भवनाचे काम जाता तितल्या बेगीन करपाखातीर सरकार काम सुरु करतले आनी अशे आस्वासन तांणी दिला. ह्यावेळार बाणावलीचे आमदारान जिल्ह पंचायत कार्यालयाच्या कारभारात पारदर्शकता ना असो आरोप ह्यावेळार केला.

---------------------------------------------

सुशांत

वास्कोच्या श्री दामोदराच्या नामनेच्या भजन सप्ताहाक आयज दनपार सावन सुरुवात जाल्या. ह्या सप्ताहा निमतान आयज रातभर भजनाच्यो मैफली वास्कोच्या दामोदर सालात जावपाच्यो आसून ह्या भजनाच्या मैफलीत आरती अंकलीकर टिकेकर आनी राजयोग धुरी हांच्यासयत गोंयांभायले आनी गोंयांतले नामनेचे भजनी कलाकार वांटेकार जावपाचे आसात. ह्या सप्ताहानिमतान मोट्या प्रमाणार भाविक वास्कोत जमिल्ले आसून जोशी हांच्या घराच्या सालात आशिल्ल्या श्री दामोदराचे दर्शन घेवपाखातीर भाविकांनी गर्दी केल्ली आसा. आयज दनपरा १२ वरांचेर सप्ताहाच्या केंद्रीय समितीचे अध्यक्ष प्रशांत जाेशी हांणी देव दामोदराक श्रीफळ अर्पण केल्या उपरांत ह्या २४ वरांच्या अखंड भजनी सप्ताहाची सुरुवात जाली. वास्को आनी मुरगाव तालुक्यांतली एकूण २४ भजनी पथकां तातूंत वांटेकार जावपाची आसात. ह्या उत्सवानिमतान आयज रातभर वास्कोत भाविकांचे यो - वच चालू उरतली त्या खातीर ह्या वाठारात येरादारीची खास वेवस्था केल्ली आसा.

--------------------------------------------

**सुशांत**

मान्य जाल्लो गोंयचो राज्यभास कायदो बदलून त्या धोरणाक नखलामी करपी मराठी आनी रोमी लिपीची मागणी विधानसभेंत आयली ह्या दोनूय मागण्या आड गोंय राज्याचे मुखेल मंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी खंबीर भूमिका घेवन राजभास कायद्याचो मान राखलो. ते खातीर माननीय मुखेल मंत्र्याक आमी मना काळजा सावन परबीं भेटयतात अशें गोवा कोकणी अकादमीन म्हळा. तशेच गोंयचो अस्मिताय दीस राज्य पावड्यार मनोवपाचो सरकारान निर्णय घेतल्या खातीर माननीय मुखेल मंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांका परबी भेटयता त्याच बरोबर ह्या विचारा फाटल्यांत रावपी विधानसभा लोक प्रतिनिधींकूय आमी दिनवासता अशें गोवा कोंकणी अकादेमीचे अध्यक्ष  डॉ. पूर्णानंद च्यारी हाणी उवाडायल्या पत्रकांत म्हटला.

--------------------------------------------

सुशांत

भारतीय रेल्वे कॅटरिंग अँड टूरिझम कॉर्पोरेशन लिमिटेड ह्या भारत सरकाराच्या रेल्वे मंत्रालयाखाला नवरत्न म्हणून नोंद जाल्ल्या कंपनीन 5 ऑगस्ट 2025 सावन भारत गौरव

पर्यटन रेल्वेंतल्यान मडगाव रेल्वे स्टेशना वयल्यान अष्ट ज्योतिर्लिंग श्रावण खाशेली यात्रा सुरू करपाची घोशणा केल्या. मडगाव सावन सुरू जावपी ह्या टूर पॅकेजीक गोंयांतल्यान बरो प्रतिसाद मेळपाक लागला अशी म्हायती ह्या कंपनीच्या सुत्रान दिल्या. ह्या श्रावण स्पेशल ज्याेतिर्लिंग यात्रेच्या पॅकेजीचे मोल दर मनशाक सुमार 23 हजार 880 रुपया पासून सुरू जाता.ऑनलायन बुकींगा खातीर www.irctctourism.com ह्या संकेतथळाक भेट दिवपाचें वा अस्तंत विभाग मुंबय कार्यालयांत 8287931886 ह्या नंबराचेर व्हॉट्सअॅप वा एसएमएस धाडपाचें आवाहन कंपनीन केलां.

--------------------------------------------

सुशांत

कोंकण रेल्वे पुलिसांनी रेल्वेंतल्यान गोंयांत येवपी स्थलांतरीत कामगारांची चवकशी मोहीम सुरू केल्या. काल मंगळारा सावन सुरू जाल्ल्या हे मोहिमेत आतां मेरेन 160 जाणांची चवकशी केल्या. ही मोहीम फुडले पंदरा दीस चालू उरतली.

--------------------------------------------

रश्मी

केंद्रिय गृहमंत्री अमित शाहा हांणी ऑनलायन मालमत्ता फसवणुकीसंदर्भात मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी पत्रवेव्हाराच्या माध्यातल्यान बरयिल्लया निवेदनाचेर बेगोबेग कारवाय करून मुंबयतल्या EOB मार्फत गुन्याव दाखल केल्याबद्दल मुखेलमंत्र्यान अमित शाहा हांचे उपकार मानल्यात. तशेंच आपणे बरयिल्लया पत्राची जाप कोकणी भाशेंत दिल्याबद्दल मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांणी खोस उक्तायल्या,सरकार देशातल्या प्रत्येक प्रादेशिक भाशेचे महत्व लक्षात घेवन तीका उर्बा दिता ही महत्वाची बाब अशे मुखेलमंत्र्यान म्हणला.आमच्या मोगाळ राजभाशेचो अधिकृत संवादात खऱ्या अर्थान उपेग जाता आणी कोंकणीची व्याप्ती वाढटा ही अभिमानची गजाल अशे मुखेलमंत्र्यान म्हणला.

--------------------------------------------

**भारतिय हवामान खात्यान फुडल्या पांच दिसात मध्य महाराष्ट्र कोंकण आनी गोंयात हकलो ते मध्यम पावस पडपाची शक्यताय उक्तायला . तशेच वारे वराक 30 ते 40 किलो**

**मिटर वेगान व्हावतले देखून नुसते मारानी खोल दऱ्यांत वचचे न्ही अशे खात्यान कळीत केला .**

गोंय बास्केटबॉल संघटणेन आयोजीत केल्ल्या राज्यपावन्द्य्वेल्या कनिश्ट बास्केटबॉल सर्तीत डीबीओ फातोर्डा पणजी 'अ', सोनिक्स आनी एनसीएस वास्को पंगडानी उपांत्य फेरयेंत पावल घाला .

आता परतून एक फावट मुखेल खबरो

ज्या नागरीकांनी इनेबलींग हावस नंबर म्हळ्यार(इएचएन) घर क्रमांक दिल्यात तांणी आपलीं घरां नियमीत करपा खातीर अर्ज करचो अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला.

राज्यातल्या खेळा-मळाक उर्बा दिवपाक सरकारान जायती पावला उबारल्यात अशे मुखेलमंत्र्यानी म्हळा.

जुवेच्या पुलाच्या दुरुस्तीचे काम बेगोबेग सुरु करता तशेंच फेब्रुवारी मेरेन नव्या पुलाच्या कामाक सुरुवात करता अशे आस्वासन मुखेलमंत्र्यानी दिला.

वास्कोच्या श्री दामोदराच्या नामनेच्या भजन सप्तकाक आयज सावन सुरुवात जाल्या.

कोंकण रेल्वे पुलिसांनी रेल्वेंतल्यान गोंयांत येवपी स्थलांतरीत कामगारांची चवकशी मोहीम सुरू केल्या.

इतल्यान हयो प्रादेशिक खबरो सोपल्या आमचे मुखावेले प्रादेशिक खबरापत्र तुमका आयकुक मेळटले फाल्या सकाळी सात जावण 25 मिंनटाचेर नमस्कार

---------------------------------------------